National News

8.40am 20.08.24

<u>पीएम मलेशिया - 90</u>

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज, आपल्या मलेशियन समकक्ष, अनवर इब्राहिम हांचेकडेन, नवी दिल्लींत उलोवप करतले. उलोवणी उपरांत, दोनूय वटांनी साबार कबलाती जावपाची शक्यताय आसा. प्रधानमंत्री मोदी तांच्या सन्मानार्थ, स्नेहभोजनाचे आयोजन करतले. उपरांत, इब्राहिम हे राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, हांका भेट दिवपाचे आसात. काल रातीं तीन दिसांच्या भारत भोंवडेर, नवी दिल्ली पाविल्ल्या इब्राहिम हांची, विदेश वेव्हार मंत्री एस जयशंकर लेगीत भेट घेतले. प्रधानमंत्री म्हूण हि तांची, पयली भारत भेट आसा. विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगला, कि भारत आनी मलेशिया हांचे इतिहासीक आनी समाजीक-संस्कृतीक संबंद घटमुट आसात.

<u>भारत जपान - 100</u>

भारत आनी जपान हांचे मदीं, आयज सांजे नवी दिल्लींत, 2+2 मंत्री पावड्यार संवाद जातलो. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आनी विदेश वेव्हार मंत्री, डॉ. एस जयशंकर, जपानचे संरक्षण मंत्री किहारा मिनोरू आनी विदेश वेव्हार मंत्री, योको कामिकावा हे बसकेंत वांटो घेतले. ह्या संवादाच्या फाटभुयेर, मंत्री राजनाथ सिंग आनी तांच्या जपानी समकक्ष हांचे मदीं, द्विपक्षीय बसका जावपाची आसा. द्विपक्षीय उलोवणी आनी 2+2 बसके वेळार, मंत्री द्विपक्षीय सहकार्याचो नियाळ घेतले आनी दोनूय देशांमदले संबंद, आनीक घटमूट करपाखातीर, नव्या उपक्रमांचो अभ्यास करतले. तशेंच परस्पर हितसंबंद आशिल्ल्या थळाव्या आनी संसारिक प्रस्नांचेर, विचारांचे दिवप घेवप करतले.

जम्मू-काश्मीर वेंचणूक - 100

जम्मू-काश्मीरांत पयल्या पावड्यावेल्या, विधानसभा वेंचणुकेची अधिसुचोवणी, आयज जारी जातली. अनंतनाग, शोपियन, कुलगाम, रामबन, किश्तवाड, आनी दोडा जिल्ह्यांतल्या, 24 विधानसभा मतदारसंघात, ह्या पावड्यार वेंचणुक जातली. ह्या पावड्यार उमेदवारी अर्ज दाखल करपाची निमाणी तारीक, 27 ऑगस्ट आसा. अर्जाची छाननी दुसऱ्या दिसा जातली. उमेदवारी फाटीं घेवपाची निमाणी तारीक 30 ऑगस्ट, आनी मतदान 18 सप्टेंबराक जातलें. केंद्रशासित प्रदेशांतल्या विधानसभा वेंचणुकेची निमाणी वेंचणूक वळेरी आयज जारी जावपाची शक्यताय आसा आनी मतदारांची संख्या 90 लाखां लागीं पावपाची, शक्यताय आसा. वाठार आनी मतदारांची तपशीलवार म्हायती दिवपी वळेरी, हे खेपे खासा म्हत्वाची थारतली, कारण जायत्या विधानसभा मतदारसंघांच्यो शिमो बदलल्यात आनी विधानसभा सुवातींची संख्या 83 वयल्यान 90 मेरेन वाडल्या.

कोलकाता बलात्कार 70

कोलकातात हालींच, एका निवासी दोतोराचेर जाल्ल्या बलात्कार आनी खून प्रकरणाचेर, आयज सर्वोच्च अस्तंत बंगाल न्यायालयांत सुनावणी जातली. सरकाराच्या आरजी कार मेडिकल कॉलेज आनी हॉस्पिटलाच्या दोतोराचेर जाल्ल्या, बलात्कार आनी खून " प्रकरणांत, भारताचे मुखेल न्यायाधीश डी. वाय. चंद्रचूड आनी न्यायाधीश जेबी परदीवाला आनी मनोज मिश्रा हांचो आस्पाव आशिल्ले, तीन न्यायाधीशांचे खंडपिठ, हे प्रकरण आयकतले. कोलकाता उच्च न्यायालयात या प्रकरणाची सुनावणी जाल्या. तांणी केंद्रीय अन्वेषण विभागाकडे हि केस हस्तांतरीत करपाचो आदेश दिला.

भारत हवामान खात्यान फुडल्या 3 दिसांत देशाच्या वायव्य, अस्तंत, उदेंत, आनी मध्य वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. दक्षिण व्दीपकल्प वाठारांतय फाल्यां मेरेन व्हड पावस पडपाचो अदमास आसा.

हवामान एजन्सी कडल्यान 23 ऑगस्ट मेरेन जम्मू, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, उत्तर प्रदेशाचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. अस्तंत बंगाल, सिक्किम, बिहार, झारखंड, अरुणाचल प्रदेश, आनी ईशान्य वाठारांतल्या कांय वाठारांनीय असोच अदमास

काडला. दक्षिण बांगलादेश आनी शेजाराचेर उण्या दाबाचो वाठार त्याच वाठाराचेर तिगून उरला अशें आयएमडीन सांगलें. उपरांतच्या फुडल्या दोन ते तीन - दिसांत गंगेटिक अस्तंत बंगाल, झारखंड आनी लागसारच्या बिहार आनी उत्तर प्रदेश आनी लागसारच्या मध्य प्रदेशांतल्यान वायव्येक आनी अस्तंत-वायव्येक वचपाची शक्यताय आसा.

<u>जे अँड के भूयकांप - 50</u>

जम्मू-काश्मीरांत आयज सकाळीं बारामुल्ला जिल्ह्यांत, 4.9 ताकीचो भूयकांप जालो. सोशल मीडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, नॅशनल सेंटर फॉर सिस्मॉलॉजीन भूयकांपाची सुवात, वेळ आनी व्याप्ती हांचे विशीं तपशील दिला. भूयकापाक लागून मरण आयिल्ल्याची वा व्हडलेंशें लुकसाण जाल्ल्याची म्हायती मेळूक ना. फुडले म्हायती खातीर, अधिकारी परिस्थितीचेर नदर दवरून आसात.

<u>Israel PM 60</u>

इस्राएलाचे प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतनयाहू हांणी, जेरुसलेमांत अमेरिकेचे सचीव एंटनी ब्लिंकेन हांचे कडेन, तीन वरां जाल्ले बसके उपरांत, बंधकांक सोडपाविशीं, " अमेरिकन 'ब्रिजिंग प्रस्तावाक' मान्यताय दिल्या. नेतन्याहू हांच्या कार्यालयान एका निवेदनांत म्हणलां, कि इस्राएलाच्यो सुरक्षा गरजो लक्षांत घेवन, बंधक सोडपाविशीं सध्याच्या अमेरिकन प्रस्तावा कडेन, इस्राएलाची वचनबद्धताय तांणी परतून सांगली. ह्या निवेदनांत नेतन्याहू हाणी पयलेच खेपे, अमेरिकेक जाहीरपणान, मान्यताय दिली.

कायदो आनी न्याय राज्यमंत्री (स्वतंत्र प्रभार) अर्जुन राम मेघवाल हांणी सोमारा (19 ऑगस्ट 2024) नोकरशायेंत बाजूक प्रवेश करपाच्या प्रस्नाचेर काँग्रेसींत खर टिका केली. काँग्रेस पक्षान आपल्या सरकाराच्या काळांत बाजूक प्रवेशाची पद्दत सुरु केल्ली अशें तांणी सांगलें. आदलो प्रधानमंत्री डॉ. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीन वेवस्था बदलून आतां बाजूक प्रवेशा खातीर संघटीत पद्दत केल्या अशें श्री मेघवाल हांणी सांगलें.

केंद्र सरकाराच्या सगल्या हॉस्पिटलांनी सुरक्षा तैनाती 25 टक्क्यांनी वाडोवपाक सरकारान परवानगी दिल्या. मानक सुरक्षा प्रोटोकॉल सोडल्यार सरकारी हॉस्पिटलांच्या वैयक्तीक मागणीचेर आदारीत मार्शलांची नेमणूक करपाकय मान्यताय दितले अशें अधिकृत सूत्रांनी सांगलें. पूण कोलकाता हॉस्पिटल प्रकरणाचेर आदारीत केंद्रीय कायदो हाडल्यार व्हडलोसो फरक पडचो ना अशें सूत्रांनी सांगलें, कारण कनिश्ट दोतोराचेर जाल्लो बलात्कार आनी खून हो दुर्येती-दोतोर हिंसाचाराची केस नाशिल्ली.

कोलकाता हांगाच्या हॉस्पिटलांत प्रशिक्षीत दोतोराचेर बलात्कार आनी खून केल्ल्याचो आरोप जाल्ल्यान केंद्रीय कायद्याची मागणी करून देशांतल्या वेगवेगळया वाठारांनी रेसिडेन्सी दोतोर निशेध करतात.

अस्तंत बंगाल, दिल्ली, हरियाणा, केरळ सयत 26 राज्यांनी आनी केंद्रशासीत प्रदेशांनी भलायकी सेवा कर्मचाऱ्यांची राखण करपा खातीर कायदे संमत केल्यात. हे गुन्यांव वळखूंक येतात आनी जामीन दिवंक मेळनात.

कांय रेसिडेन्सी दोतोर संघटनां कडेन बसका घेवन तांकां हे आंग स्पश्ट केल्यात अशें अधिकाऱ्यांनी सांगलें.

डीजी भलायकी सेवांच्या अध्यक्षते खाला एक समिती घडोवन हाडून हॉस्पिटलांतल्या रहिवाशांच्या सुरक्षा आनी सुविधांचे वेगवेगळे आंग जशे की ड्युटी रूम आनी कामाचे वेळ पळयतले.

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सोमारा (19 ऑगस्ट 2024) नवी दिल्लीत जाल्ले बसकेंत भौशीक क्षेत्रांतल्या बँकांच्या कामगिरीचो नियाळ घेतलो. तातूंत अर्थीक सेवा खात्याचे सचीव डॉ विवेक जोशी, भौशीक क्षेत्रांतल्या बँकांचे वेवस्थापकीय संचालक आनी मुखेल कार्यकारी अधिकारी आनी हेर वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले. बसके वेळार सुश्री सीतारमण हांणी बँकांच्या भलायकेचे म्हत्वाचे निर्देशक आशिल्ल्या डिपॉझिट वाड, क्रेडीट-डिपॉझिट प्रमाण आनी मालमत्तेचो दर्जो हांचो नियाळ घेतलो.

तशेंच पीएम आवास येवजण, पीएम सूर्य घर, पीएम विश्वकर्मा येवजण्यो अशा सरकारी उपक्रमां खाला भौशीक क्षेत्रांतल्या बँकांच्या कामगिरीचेंय अर्थमंत्रीन मूल्यमापन केलें. मोदी सरकाराच्या तिसऱ्या कार्यकाळांत अर्थमंत्री म्हणून काम सांबाळळया उपरांत सुश्री सीतारामन हांची बँकांची ही पयली पुनरावलोकन बसका.

तशेंच अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सोमारा (19 ऑगस्ट 2024) नवी दिल्लींत प्रादेशिक ग्रामीण बँकांच्या आरआरबींच्या पुनरावलोकन बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे. हाजीर आशिल्ल्या सगल्या 43 आरआरबी सयत हे बसकेंत वेवसायीक कामगिरी, डिजिटल तंत्रज्ञान सेवा सुदारप, आनी एमएसएमई क्लस्टरांत वेवसायीक वाड वाडोवपाचेर भर दिल्लो. ग्रामीण अर्थवेवस्थेक आदार दिवपाक आरआरबींची म्हत्वाची भुमिका पळयल्यार, सुश्री सीतारमण हांणी आरआरबींक - तांच्या प्रायोजक बँकांच्या सक्रिय आदारान- पीएम विश्वकर्मा आनी पीएम सूर्य ह्या सारक्या वेगवेगळया येवजण्यां खाला रिणां मंजूर करतना लावार्थ्यांची स्पश्ट वळख करपाचेरय चड भर घालचो अशें आवाहन केलें घर मुफ्त बिजली येवजण. तशेंच जमनीवयल्या शेतकी पतपुरवठ्याच्या वितरणांत आरआरबींक आपलो वाटो वाडोवपाचे निर्देश दिले. हे बसकेंत अर्थीक सेवा खात्याचे नियुक्त सचीव, अतिरिक्त सचीव, डीएफएसचे हेर वरिश्ठ अधिकारी, आरबीआय, सिडबी, नाबार्डाचे प्रतिनिधी, आरआरबीचे अध्यक्ष आनी प्रायोजक बँकांचे सीईओ हाजीर आशिल्ले

<u>पीएम पॅरालिंपिक 90</u>

ह्या म्हयन्याच्या 28 तारखेक सुरु जावपी, पॅरिस पॅरालिंपिक सर्तीच्या फाटभुयेर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, भारतीय पंगडाकडेन, संवाद सादलो. काल व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवीं जाल्ल्या ह्या संवादांत, प्रधानमंत्री मोदी हाणी सांगले, कि हे खेळगडे भारताचे ध्वजवाहक म्हणून, पॅरिसाक वचपाचे आसात. हे खेळगडे पॅरिसांत आसप, हो देशाखातीर अभिमानाचो विषय आसा. 140 कोटी देशवासी, खेळगड्यांक आशीर्वाद दितात, अशें मोदी हांणी सांगलें. खेळां मंत्री मनसुख मांडाविया हांणी सांगलें, हे खेपे भारत पॅरालिंपिकांत वांटो घेवपा खातीर, आपलो आतां मेरेनचो सगळयांत व्हड पंगड धाडटा. तांणी सांगलें, कि 84 प्रतिभावान भारतीय खेळगडे, पॅरिस पॅरालिंपिकांत भारताचें प्रतिनिधित्व करतले.